# राज्यपालाकडल्यान शिक्षक दिसाची परबीं

ता. 4 सप्टेंबर 2024

गोंयचे राज्यपाल श्री पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी शिक्षक दिसानिमतान गोंयच्या समस्त शिक्षक वर्गाक मनाकाळजासावन उर्बेभरीत परबीं भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, आमच्या समाजातल्या सगळ्या शिक्षकांनी खर परिश्रम आनी समर्पित पणान दिल्ल्या योगदानाक आदरांजली म्हूण 5 सप्टेंबराक शिक्षक दीस मनयतात. म्हान शिक्षक , तत्वज्ञानी, शिक्षणतज्ञ आनी तळमळ आशिल्लें मानवतावादी डॉ. सर्वपल्ली राधाकृष्णन हांची 5 सप्टेंबराक जयंती. ते एक राजनितीतज्ञ आशिल्लें आनी आमच्या देशाचे दुसरें राष्ट्रपती आनी पयले उपराष्ट्रपती म्हूण तांणी सेवा केल्या.

मजबूत देशाखातीरची बुन्याद युवा आनी बुद्दीमान पिळगीच्या शक्तिचेर उबारली वता. शिक्षक हो आमच्या खातीर आदर्श आसून प्रत्येक विद्यार्थ्यांच्या जीणेत परिवर्तन घडोवपाक शिक्षकाची भुमिका प्रभावी आसा. शिक्षक हो ज्ञानाचे आनी अणभवाचे भांडार आसपाक जाय आनी शिक्षकांनी दिल्ल्या आदर्श मुल्यांच्या शिकवणीतल्यान विद्यार्थ्यांक आपल्या जीणेत यसस्वी जावपाक मजत जातली. शिक्षक-विद्यार्थांच्या आदर्श नात्यातल्यान बरो सभाव, शिस्त आनी बांदिलकीची भावना वाडिक लागतली, अशें म्हाका दिसता.

शिक्षक दिसाच्या ह्या म्हत्वाच्या प्रसंगार हांव समस्त शिक्षक वर्गाकडेन मागता, की तांणी डॉ. सर्वपल्ली राधाकृष्णन हांची जीण आनी कार्यातल्यान प्रेरणा घेवन भारताक विकसीत राष्ट्र करपा खातीर सकारात्मक भुमिका निभावपाचे काम करचे.

गिन्यानी आनी सलोख्याचो समाज निर्माण करपाक आपली समर्पित सेवा दिवपी समस्त शिक्षकांक हांव परत एक फावट काळजा सावन उर्बेभरीत परबीं दिता.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/468

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.